# SUMMATIVE EVALUATION II
## 2025-2026

**Grade: 5 ENGLISH MEDIUM** **Subject: Konkani TL** **Marks: 30**

**Time: 90 min** **Subject code: 5TLKON**

---

## BLUE PRINT

| Question Paper Blueprint Based on Revised Bloom's Taxonomy | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|
| **Sr. No.** | **Cognitive Level (RBT)** | **Description/Skills** | **Weightage** | **Marks** | **Number of Questions** | **Question Types** |
| 1 | **Remember** | Recall facts and basic concepts/**Awareness** | 10% | 3 | 3 | पर्याय वेंचून - 2<br>कोणे कोणाक म्हणलें - 1 |
| 2 | **Understand** | Explain ideas or concepts/**Awareness** | 10% | 3 | 3 | ८-१० उतरांनी जाप (गद्य पाठ) - 1<br>८-१० उतरांनी जाप (पद्य पाठ) - 1<br>क्रियापद - 1 |
| 3 | **Apply** | Use knowledge in new situations/**Sensitivity** | 25% | 7 | 7 | उरफाटीं उतरां - 1<br>लिंग - 1<br>वचन - 1<br>वाक्प्रचार आनी अर्थ - 1<br>अणकार - 3 |
| 4 | **Analyze** | Draw connections among ideas/**Sensitivity** | 25% | 8 | 6 | काळ - 1<br>उतारो (समानार्थी उतर) - 1<br>उतारो (उरफाटें उतर) - 1<br>२५-३० उतरांनी जाप (गद्य पाठ) - 2<br>८-१० उतरांनी जाप (पद्य पाठ) - 1<br>जोड्यो लावप (पद्य पाठ) - 2 |
| 5 | **Evaluate** | Justify a decision or course of action/**Creativity** | 15% | 4 | 4 | उतारो (दोन प्रस्न) - ८-१० उतरांनी जाप - 2<br>८-१० उतरांनी जाप (पद्य पाठ ) - 1<br>८-१० उतरांनी जाप (गद्य पाठ ) - 1 |
| 6 | **Create** | Produce original work/**Creativity** | 15% | 5 | 1 | निबंद - 5 |

| Weightage to the different areas of Content | | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| **Chapter No.** | **Chapter Name** | **Marks** | | | | | | **Total Marks** |
| | | **Remember** | **Understand** | **Apply** | **Analyse** | **Evaluate** | **Create** | |
| | **गद्य पाठ** | | | | | | | |
| **11** | मदर तेरेझा | | | | 2 | | | 2 |
| **12** | देख | 1 | | | | | | 1 |
| **16** | खरी आवय | 1 | | | | | | 1 |
| **18** | मिलाग्र सायबिणीचें फेस्त | 1 | | | 1 | | | 2 |
| **20** | बापूजी | | 1 | | | 1 | | 2 |
| | | | | | | | | |
| | **पद्य पाठ** | | | | | | | |
| **17** | लोक गीत | | | | 1 | 1 | | 2 |
| **21** | शबरी आनी बोरां | | 1 | | 1 | | | 2 |
| | | | | | | | | |
| | **व्याकरण पाठ** | | | | | | | |
| | क्रियापद | | 1 | | | | | 1 |
| | लिंग | | | 1 | | | | 1 |
| | वचन | | | 1 | | | | 1 |
| | काळ | | | | 1 | | | 1 |
| | उरफाट्या अर्थाचीं उतरां | | | 1 | | | | 1 |
| | वाक्प्रचार आनी अर्थ | | | 1 | | | | 1 |
| | | | | | | | | |
| | **रचना पाठ** | | | | | | | |
| | निबंद | | | | | | 5 | 5 |
| | वाक्यांचो अणकार | | | 3 | | | | 3 |
| | उतारो | | | | 2 | 2 | | 4 |
| | | | | | | | | |
| **Total** | | **3** | **3** | **7** | **8** | **4** | **5** | **30** |

| Sr. No. | Chapter | Level | | | | | | | | | | | | | | | | | | | Total |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| | | Remember | | | Understand | | | Apply | | | Analyse | | | Evaluate | | | Create | | | | |
| | | 1 mrk | 2 Mrk | 3 Mrk | 1 mrk | 2 Mrk | 3 Mrk | 1 mrk | 2 Mrk | 3 Mrk | 1 mrk | 2 Mrk | 3 Mrk | 1 mrk | 2 Mrk | 3 Mrk | 1 mrk | 2 Mrk | 3 Mks | 5 Mrk | |
| 1 | मदर तेरेझा | 4 (1)* | | | | | | | | | | 9 (2) | | | | | | | | | 2 |
| 2 | देख | 1 (1) | | | 8 (1)* | | | | | | | | | | | | | | | | 1 |
| 3 | खरी आवय | 3 (1) | | | | | | | | | | 10 (2)* | | | | | | | | | 1 |
| 4 | मिलाग्र सायबिणीचें फेस्त | 2 (1) | | | | | | | | | 6 (1) | | | | | | | | | | 2 |
| 5 | बापूजी | | | | 5 (1) | | | | | | | | | 7 (1) | | | | | | | 2 |
| 6 | लोक गीत | | | | 15 (1)* | | | | | | 11 (1) | | | 13 (1) | | | | | | | 2 |
| 7 | शबरी आनी बोरां | | | | 14 (1) | | | | | | 12 (1) | | | | | | | | | | 2 |
| 8 | क्रियापद | | | | 16 (1) | | | | | | | | | | | | | | | | 1 |
| 9 | लिंग | | | | | | | 17 (1) | | | | | | | | | | | | | 1 |
| 10 | वचन | | | | | | | 18 (1) | | | | | | | | | | | | | 1 |
| 11 | उरफाटीं उतरां | | | | | | | 19 (1) | | | | | | | | | | | | | 1 |
| 12 | वाक्प्रचार आनी अर्थ | | | | | | | 20 (1) | | | | | | | | | | | | | 1 |
| 13 | काळ | | | | | | | | | | 21 (1) | | | | | | | | | | 1 |
| 14 | अणकार | | | | | | | | | 22 (3) | | | | | | | | | | | 3 |
| 15 | उतारो | | | | | | | | | | 23 (1)<br>24 (1) | | | 25 (1)<br>26 (1) | | | | | | | 4 |
| 16 | निबंद | | | | | | | | | | | | | | | | | | | 27 (5) | 5 |
| | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | | |
| Total | | 3 | | | 3 | | | 4 | | 3 | 6 | 2 | | 4 | | | | | | 5 | **30** |

**NOTE:** Figures outside the bracket indicate the question number and figures within the bracket indicate marks.

Optional question may be shown with an * mark

**MODEL QUESTION PAPER**

---

**सुचोवण्योः**

1. **प्रस्न क्रमांक स्पश्ट बरयात.**
2. **सगळे प्रस्न गरजेचे आसात.**
3. **उजवे वटेन प्रस्नांचे गूण दिल्ले आसात.**
4. **एकूण वट्ट प्रस्न 27 आसात.**

---

**पाठ्यपुस्तकाच्या आदारान सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय विधानां मुखार जोडून वाक्यां पुराय करून परत बरयात.** **(2)**

**1)** नुस्तें नासून खारव्याचेर ____________________

- दुयेंस आयलें.
- उपाशी रावपाची पाळी आयली.
- बरे दीस आयले.
- वयल्यांतलो खंयचोय पर्याय सारको ना.

**2)** मिलाग्र सायबिणीची मूर्त इगर्जे भायर ____________________

- एका ल्हानशा आंगणांत दवरिल्ली.
- एका ल्हानशा घरांत दवरिल्ली.
- एका ल्हानशा माटवांत दवरिल्ली.
- वयल्यांतलो खंयचोय पर्याय सारको ना.

(1)

**सकयल दिल्लें खंयचेंय <u>एक विधान</u> कोणे कोणांक म्हणलां तें बरयात.**

**3)** “न्याय दिवपाक बुदवंतकाय जाय ती तुवें मागल्या.”

**4)** “मदर, तूं गरीब-दुबळ्यांच्या आदाराक कित्याक धावन वता?”

**P.T.O**

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>तीन प्रस्नांच्यो</u> जापो 8-10 उतरांनी बरयात.** (3)

5) हरिजन चली कित्याक रडूंक लागली?

6) फेस्ताचे फेरयेंत आयिल्ल्या खंयच्याय दोन मातयेच्या आयदनांची नांवां बरयात.

**7)** बापूजीचो भेस सादो आशिल्लो हें आमकां कशें कळटा?

**8)** तळ्या कुशीच्या वाठारांत पावस उणो कित्याक पडलो?

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>एका प्रस्नाची</u> जाप 30-35 उतरांनीबरयात.** (2)

**9)** मदर तेरेझान गरीब-दुबळ्यांची सेवा कशे तरेन केली?

**10)** सोलोमन राजान खरे आवयक कशी पारखिली?

**पाठ्य पुस्तकाच्या आदारान‘अ’ आनी ‘ब’ गटांत दिल्ल्यो कवितेच्यो वळी जोडून बरयात.** (2)

| | **‘अ’** | **‘ब’** |
|---|---|---|
| 11) | आमी शेत रोयलें दोगांयनी | • सगळी बोरां तोंचलीं |
| 12) | अशीं कशीं सुकण्या पिलान | • भेडां मोडाय गो भाटांनी |
| | | • अर्दें अर्दें करून भागांनी |
| | | • भक्ती गोड लागली |

**कवितेच्या आदारान सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>दोन प्रस्नांच्यो</u>जापो8-10 उतरांनी बरयात.** **(2)**

**13)** शेतकार पावसा दिसांनी शेतांत कसलें काम करता?

**14)** रामाचें पावल शबरेच्या घरा पडना फुडें कितें जालें?

**15)** शेतकाराच्या काळजांत खोशेचें ल्हार कित्याक फुटलां?

**P.T.O**

**सकयल दिल्ल्या वाक्यातलें क्रियापद वळखून बरयात.** **(1)**

16) भुरगो मन लावन शिकता.

17) **सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय एका</u> उतराचें लिंग बदलून बरयात.** **(1)**

- दादलो
- माजर
- कोंबो
- चली

**18)** **सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय एका</u> उतराचें वचन बदलून बरयात.** **(1)**

- शेत
- तळीं
- बावलें
- जनावरां

**19) सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय एका</u> उतराचें उरफाटें उतर बरयात.** **(1)**

- गिरेस्त
- राग
- फुडें
- लागीं

**20) सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय एका</u> वाक्प्रचाराचो अर्थ बरयात.** **(1)**

- मनाक लावन घेवप
- काना मनार घेवप ना

**P.T.O**

**21) सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय एका</u> वाक्याचो काळ वळखून बरयात.** **(1)**

- म्हजो आजो भोंवडेक गेल्लो.
- ल्हान भुरगो आंगणांत खेळटा.

**22) सकयल दिल्ली<u>खंयचीय तीन</u>इंगलीशींतली वाक्यां कोंकणीत अणकार करून बरयात.** (3)

- I helped that old man.
- A bird is sitting on the tree.
- He is singing a song.
- Roy went to the market.

**सकयल दिल्लो उतारो वाचून विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.**

झाडां आमकां खूब गरजेचीं. झाडां आमकां सगळ्यांक जिवीं दवरतात. झाडां आमकां प्राणवाय, फळां, फुलां, लाकूड दितात. झाडांक लागून पावस पडटा आनी आमकां अन्न मेळटा. झाडांची मुळा माती घट्ट धरतात आनी ताका लागून माती व्हांवून वचना.

**<u>प्रस्न</u>**

23) 'कमी' ह्या उतराचेंउरफाट्या अर्थाचें उतरउताऱ्यांतल्यान सोदून काडून बरयात. **(1)**

24) 'जेवण' ह्या उतराचेंसमान अर्थाचें उतरउताऱ्यांतल्यान सोदून काडून बरयात. **(1)**

25) झाडां पासून आमकां कितें- कितें मेळटा? **(1)**

26) झाडां आसा थंय माती व्हांवून कित्याक वचना? **(1)**

27) **सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय एका</u> विशयाचेर 50 -60 उतरांचो निबंद बरयात.** **(5)**

- म्हजी आवय
- गांवचें फेस्त
- मदर तेरेझा
- म्हजो इश्ट

---

## Answer Key

| | | |
|---|---|---|
| 1) | उपाशी रावपाची पाळी आयली. | 1 |
| 2) | एका ल्हानशा माटवांत दवरिल्ली. | 1 |
| 3) | देवान सपनांत येवन सोलोमनाक म्हणलें. | 1 |
| 4) | वार्ताहरान मदर तेरेझाक म्हणलें. | 1 |
| 5) | आपणा कडेन बापूजीची हारशी सकयल पडून फुटली म्हूण हरिजन चली रडूंक लागली. | 1 |
| 6) | मडक्यो, बुडकुले, कुळणीं, गुलगुले... | 1 |
| 7) | धोंपरामेरेन वालो, दोळ्यांक वक्ल आनी हातांत दांडो हाचे वयल्यान बापूजीचो भेस सादो आशिल्लो हें आमकां कळटा. | 1 |
| 8) | एका गिरेस्तान दोंगरा वेलीं झाडां मारिल्ल्यान तळ्या कुशीच्या वाठारांत पावस उणो पडलो. | 1 |
| 9) | मदर तेरेझान गरीब-दुबळ्यांची सेवा मोगान केली. तांचे खातीर 'निर्मळ काळीज' हें आस्त्रम सुरू केलें. मदर तेरेझा ह्या आस्त्रमांत गरीब-दुबळ्यांची जतनाय घेवंक लागली. अनाथांक तिणें आवयचो मोग दिलो. | 2 |
| 10) | जेन्ना सोलोमन राजान भुरग्याक कातरून ताचीं दोन अर्दीं करुया म्हणलें आनी दोगूय बायलांक एक-एक अर्द मेळटलें अशें सांगलें. तेन्ना खरी आवय | 2 |

सोलोमन राजाच्या पांयां पडली आनी भुरग्याक कातरूं नाका, तो तिका दियात, पूत जितो आसतकच जालो अशीं मागणीं केलीं.

11) अर्दें अर्दें करून भागांनी. 1

12) सगळी बोरां तोंचलीं. 1

13) शेतकार शेत रोवपाची तयारी करता. शेतांत जोत घालता, बीं घालता. 1

14) रामाचें पावल शबरेच्या घरा पडना फुडें शबरेची खोंप नव्या धनान भरली. 1

15) शेत बरें पिकून तयार जालां म्हूण शेतकाराच्या काळजांत खोशेचें ल्हार फुटलां. 1

16) शिकता- क्रियापद. 1

17) 1
- दादलो- बायल.
- माजर- बुकलो.
- कोंबो- कोंबी.
- चली- चलो.

18) 1
- शेत- शेतां.
- तळीं- तळें.
- बावलें- बावलीं.
- जनावरां- जनावर.

19) 1
- गिरेस्त- गरीब.
- राग- मोग.
- फुडें- फाटीं.
- लागीं- पयस.

20) 1
- मनाक लावन घेवप- वायट दिसप.

- काना मनार घेवप ना- आयकप ना.

**21)**
- म्हजो आजो भोंवडेक गेल्लो- भूतकाळ. **1**
- ल्हान भुरगो आंगणांत खेळटा- वर्तमानकाळ.

**22)**
- हांवें त्या जाणट्या मनशाक आदार दिलो. **1**
- सवणें झाडार बसलां. **1**
- तो गीत गायता. **1**
- रॉय बाजारांत गेला.

**23)** 'कमी'- खूब **1**

**24)** 'जेवण'- अन्न **1**

**25)** झाडां आमकां प्राणवाय, फळां, फुलां, लाकूड दितात. **1**

**26)** झाडांची मुळा माती घट्ट धरतात आनी ताका लागून माती व्हांवून वचना. **1**

**27)** विद्यार्थी दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर योग्य वाक्प्रचार, म्हणी घालून आपले विचार मांडून निबंद बरयता. **5**

-----------------------------------------------------------